# स्वच्छ भारत अभियान यशस्वी करपाक ग्रामपंचायतींनी योगदान दिवचे-मुख्यमंत्री

ता. 1 फेब्रुवारी 2018

12 माघ 1939

गोंय राज्यात स्वच्छ भारत अभियान यशस्वी करपाचातीर प्रत्येक ग्रामपंचायतीन योगदान दिवपाची गरज आसा. उघड्यार घाण करपाचे थांबोवपाखातीर सरकार राज्यातल्या दोनीय जिल्हयांनी मेळून 72,000 शौचालया बांदतले, अशें मुख्यमंत्री श्री. मनोहर पर्रीकर हांणी आयज ताळगांवा पंचायत संचालनालयान गोंय कोयर वेवस्थापन महामंडळाच्या सहकार्यान आयोजित स्वच्छ भारत अभियान जाग्रुती कार्यक्रमात उलयताना सांगले.

फुडें उलयताना मुख्यमंत्र्यान सांगले, राज्यातली कोयराची समस्या सोडोवपाक प्रत्येक नागरिकान जबाबदारी घेवपाक जाय. ग्रामसंस्था आनी लोकांच्या सहकार्याबगर एकटया सरकाराक ते शक्य ना. कोयराची समस्या सोडोवपाक काकोडा, बायंगिणी आनी वेर्णा उद्देगीक वसूणकेत कोयर प्रक्रिया प्रकल्प उबारपाची सरकाराची येवजण आसा अशें तांणी सांगले.

पंचायत संचालक श्रीमती संध्या कामत, गोंय कोयर वेवस्थापन महामंडळाचे वेवस्थापकीय संचालक श्री. संजीत रॉड्रिग्स, श्री. पराग नगर्सेकर आनी श्री. रिचर्ड डायस हांणी स्वच्छ भारत अभियानाचो वावर, कोयर वेवस्थापन, कोयर प्रक्रिया आनी हेर नितळसाण कामांची म्हायती दिली.

पंचायतमंत्री श्री. माविन गुदिन्हो, घरनिर्माणमंत्री श्री. जयेश साळगांवकर, पंचायत सचिव श्री. संजय गोयल, जिल्हो पंचायत सीईओ श्रीमती अंकीता नावेलकर आनी हेर अधिकारी कार्यक्रमाक हजर आशिल्ले.